**राष्ट्रीय लश्कर महाविद्यालय प्रवेश परीक्षे खातीर अर्ज**

ता. 19 जुलय 2024

देहराडून उत्तराखंड हांगाच्या राष्ट्रीय भारतीय लश्कर महाविद्यालयांत इयत्ता 8 वीच्या वर्ग प्रवेशाखातीर इयत्ता 7 वीच्या वर्गात शिकपी वा इयत्ता 7 वी उत्तीर्ण चलें आनी चली विद्यार्थ्यांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. प्रवेश परीक्षा संबंदीत राज्यांतल्या निवडक केंद्रांचेर ता. 1 डिसेंबर 2024 दिसा जातली. विद्यार्थ्यी/विद्यार्थीनीची पिराय साडे अकरा वर्सां ते 13 वर्सां मजगती आसपाक जाय, म्हणजे विद्यार्थी/विद्यार्थ्यीनीचो जल्म 2 जुलय 2012 वर्सा पयली आनी 1 जानेवारी 2014 वर्सा उपरांत जाल्लो आसपाक जायना.

म्हायती पुस्तिका तथा विहित नमुन्यातले अर्ज आनी पोरण्या प्रस्नपत्रीकांची पुस्तीका राष्ट्रीय भारतीय लश्कर महाविद्यालयाच्या www.rimc.gov.in. ह्या वेबसायटीवयल्यान आवश्यक शुल्क फारीक करून ऑनलायन मेळोवची. राज्य सरकाराकडेन ता. 30 सप्टेंबर 2024 मेरेन अर्ज पावपाक जाय.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/324

--

-----------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.